# संस्कृती आनी साहित्य लोकांक संघटीत करपाचे माध्यम-डॉ. मृदुला सिन्हा

ता. 31 जुलय 2017

9 श्रावण 1939

राज्यातल्या लोकांक संघटीत राखपाखातीर संस्कृती आनी साहित्य ही दोन म्हत्वाची माध्यमां जावन आसा आनी ही दोनीय माध्यमा लोकांक एकटाय बांदून दवरता, अशें गोंयची राज्यपाल डॉ.(श्रीमती) मृदुला सिन्हा हांणी हालीच मिनेझिस ब्रागांझा सभाघरात राष्ट्रीय कवी रामधारी सिंग दिनकर आनी महात्मा गांधी हांच्या राष्ट्रवादी विचारांचेर आयोजित केल्ल्या चर्चासत्र कार्यक्रमाच्यो मुखेल सोय-यो म्हुण उलयताना सांगले. तांच्या दोघांच्याय लिखाणातल्या राष्ट्रीय भावनाचेर भासाभास जाली.

महात्मा गांधी आनी दिनकर हांचे लिखाण वेगवेगळया विशयांचेर आसले तरी राष्ट्रवादी भावनांचो संदेश दिवपी आसा, अशेंय डॉ. सिन्हा हांणी सांगले.

हया वेळार लोकसभा वांगडी आनी आदले केंद्रीयमंत्री डॉ. सी.पी.ठाकूर, हिंदी कवी डॉ. ओम निश्चल, समाज कार्यकर्त्या उषा ठाकूर, गोंय विद्यापीठाच्या हिंदी विभाग प्रमुख प्रो. वृशाली मांद्रेकर, जयते फाऊंडेशनचे सचिव वंदन कुमार, पत्रकार श्रीराजेश आनी एनजीओचे ट्रस्टी प्रचय, स्नेहील हाजिर आशिल्ले.